06.02.2025

7.25 am

सावंत 130

गोंयकारांक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या संपर्कांत रावंक मेळचें हे खातीर सरकारान 'आमचो दोतोर' हें नवें ॲप सुरू केलां. 'हॅलो गोंयकार' उपरांत आतां लोकांक थेट मुख्यमंत्र्यांच्या संपर्कांत हाडपा खातीर 'आमचो दोतोर' नांवान नवें ॲप सुरू केलां. हें ॲप मोबायलार डावनलोड करून लोकांक थेट मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांच्या संपर्कांत रावंक मेळटलें. ह्या ॲपा वरवीं केंद्र आनी राज्य सरकाराच्या विवीध येवजण्यांची म्हायती मेळोवंक येतली. तशेंच नोकरेचे संदी सयत राज्यांतली म्हत्वाची म्हायती लेगीत ह्या ॲपा वरवीं लोकांक मेळतली. गांवांनी आनी शारांनी रावपी गोंयच्या लोकांचे दरेक प्रस्नाचेर मात करपाचे यत्न मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावत हांच्या फुडारपणा खालचे सरकार करीत आसा. तशेंच केंद्र आनी राज्य सरकाराच्यो येवजण्यो तळागाळा मेरेन पावोवन गांवगिऱ्या वाठारांतल्या लोकांक ताचो लाव मेळोवन दिवपाचें काम प्रशासना कडल्यान सुरू आसा. ते खातीर ह्या ॲपाच्या माध्यमांतल्यान अशा येवजण्यांची म्हायती दिवपाची वेवस्थाय केल्ल्याचें सरकारी गोपांनी सांगलें.

PTI 140

गोंय सरकारान सध्या सुरू आशिल्ल्या  महाकुंभमेळ्यात सहभागी गोवा सरकारने सध्या सुरू आशिल्ल्या  महाकुंभमेळ्यात सहभागी जावपाक भाविकांक  मोफत प्रवास करपाक मेळचो  म्हण  तीन खाशेलीं गाडयो सुरू करपाची घोशणा केल्या. 6 फेब्रुवारीक सकाळीं 8 वरांचेर मडगांव रेल्वे स्टेशनाचेर पयली गाडी सुटतली अशें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें. हेर दोन गाडयो 13 आनी 21 फेब्रुवारीक मडगावसान सुटतल्यो अशें तांणी सांगलें. गोंय

आनी प्रयागराज हांचे मदीं चलपी दरेक रेल्वे सुमार एक हजार प्रवासी व्हरतले अशें सावंत हांणी सांगलें. भक्तांक फुकट प्रवास आनी जेवणाची वेवस्था करतले, 34 वरांचो प्रवास करून ह्यो गाडयो प्रयागराजाक पावतली अशें राज्य समाज कल्याण मंत्री सुभाष फल देसाय हांणी सांगलें. 24 वरां उपरांत भक्तांक प्रयागराजांतल्यान परत येवपी गाडयेंत चडचें पडटलें अशें तांणी सांगलें.

मुख्यमंत्र्याच्या देव दर्शन येवजणेचो एक भाग म्हूण ह्यो गाडयो चलतात. तशेंच 18 ते 60 वर्सां पिरायेच्या लोकांक, जांकां भलायकेची व्हडलीशी समस्या ना, तांकां ह्या गाडयांनी भोंवपाक पात्रताय आसा अशें तांणी सांगलें.

महाकुंभ 75

प्रयागराजांतल्या महाकुंभांत आयज आदिवासी सांस्कृतीक मेळावो 2025 आयोजित केला, जातूंत देशभरांतले 15 हजारां परस चड आदिवासी वांटो घेतले. आमच्या प्रतिनिधीच्या म्हाईती प्रमाण ह्या स दिसांच्या कार्यावळी वेळार आदिवासी लोकांची संस्कृताय आनी परंपरेची राखण करपाची प्रतिज्ञा प्रत्येकजाण घेतले. बिरसा मुंडाच्या १५०व्या जयंतीच्या निमतान २०२५ वर्स जनजाती गौरव वर्स म्हूण जाहीर केलां. ह्या युवा कुंभांत देशभरांतले आठ हजारां परस चड आदिवासी तरणाटे वांटो घेतले अशें अखिल भारतीय वनवासी कल्याण आश्रमाचे आयोजक सचीव अतुल जोग हांणी आकाशवाणी न्यूजांकडेन उलयतना सांगलें.

रिझर्व्ह 50

भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या चलनविषयक धोरण समिती (MPC) ची बसका मुंबयंत सुरू जाली. ही बसका शुक्रारा मेरेन चलतली. आरबीआयचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा शुक्रर सकाळी MPC चे व्याजदरांवेले निर्णय जाहीर करतले. राष्ट्रपतीच्या अध्यक्षपदा खाला नव्यान नेमिल्ल्या आरबीआय गव्हर्नरची ही पयली बसका. सध्या फेब्रुवारी 2023 सावन रेपो दर 6.5 टक्क्यांर अपरिवर्तित दवरला.

सर्त 120

गोवा राज्य इनोव्हेशन कौन्सिल, गोंय सरकारचे विज्ञान, तंत्रज्ञान खाते आनी कोयर व्यवस्थापन खात्याच्या जोडपालवान नाविन्यपूर्ण प्रकल्प संकल्पना युवा पुरस्कार सर्त जाहीर केली.

फातोर्डा - मडगाव हांगाच्या डॉन बॉस्को अभियांत्रिकी महाविद्यालयात घेतिल्ले पत्रकार परिषदेत गोंय राज्य इनोव्हेशन कौन्सिलचे चेअरमन जुझे मानुएल नोरोन्हा, विज्ञान, तंत्रज्ञान व कोयर व्यवस्थापन खात्याचे संचालक अंकित यादव हांणी ही म्हायती दिली. महाविद्यालयाचे संचालक फादर किन्ले डिक्रुझ व प्राचार्य डॉ. निना पाणंदीकर हांचे हाजेरीत ह्या सर्तीच्या म्हायती पुस्तिकेची उजवाडावणी केली.

ही सर्त दोन गटांमदी जातली. तातूंत पाचवी ते सातवी आनी आठवी ते नववी अशें दोन गट आसतले. दरेक गटातल्या जैतवंताक दरेकी 20, 10 व 5 हजार रुपये अशी रोख इनामां दितले. ह्या जैतवंतांक अापली प्रकल्प संकल्पना मुखार व्हरपाखातीर फावो तो सगलो आदार सरकारावतीन दितले अशे नोरोन्हा हांणी सांगलें.

प्रदर्शन 120

गोंय कला अकादमीन घेतिल्ल्मा राज्य पावंड्या वयल्या ४९ व्या राज्य कला प्रदर्शनाचो निकाल घोशीत ज़ाला.सर्त तीन गटांनी घेतिल्ली. painting ani graphic print विभागांत अनिकेत नवानंद कुंकळ्येकार,शैलेश दाभोळकार,आनी

ओंकार सगुण बानावले,हे जैतीवंत थारल्यात.applied art and graphic design विभागांत राजाराम यस.नायक ,विक्रम होशींग आनी श्रीयश शिव प्रसाद काणेकार हांकां इनामां घोशीत जाल्यात.जाल्यार स्कलप्चर विभागांत शुभम लक्ष्मीकांत नायक,पांडुरंग आनंद नायक,तशेंच भिसाजी गडेकार हांकां इनामां खातीर वेंचून काडल्यात.दरेक जैतिवंताक दरेकी वीस हजार रुपयांचें इनाम फावो जालां.कला अकादमीन घेतिल्ल्या ह्या स्पर्धात्मक प्रदर्शनाचे परीक्षक म्हण डो.सुबोध केरकार, मारीया प्रेरणा,आनी तानाजी शेट हे वावुरले.संबंदितांचें प्रदर्शन ८ फेब्रुवारी क कला अकादमी च्या आर्ट गेलरिंत जातलें.

--------